आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

राष्ट्रीय  खबरो

Date :18/01/2025        6.30 PM

स्वामित्व येवजणे खाला दिल्लें ई-प्रॉपर्टी कार्ड फकत दस्तावेज न्हय तर अर्थीक सुरक्षेची हमी आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी स्पश्ट केलें. ताणी आयज व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगांवरवी स्वामित्व येवजणे खाला धा राज्यां आनी दोन केंद्र शासीत प्रदेशातल्या 65 लाखां वयर लावार्थ्यांक प्रॉपर्टी कार्डां भेटयली. गांवगिऱ्या वाठारांतल्या लोकाक तांच्या जमनीचो मालकी हक्क दिवप हो ह्या येवजणेचो हेत आसा. हे येवजणे वरवीं मालमत्तेचें योग्य दस्तावेजीकरण जाल्या कारणन वाद उणे जातात, बँकां कडल्यान रीण मेळप सोंपें जाता ,आनी बेकायदेशीर अतिक्रमणांसून राखण मेळटा. हे येवजणे खाला आतां मेरेन 3 लाख 17 हजार गांवांनी ड्रोन सर्वेक्षण पुराय जाला. देड लाखां परस चड गांवां खातीर अडेज कोटी प्रॉपर्टी कार्ड तयार केल्यात. ही येवजण पुडुचेरी, अंदमान निकोबार जुंवे, त्रिपुरा, गोंय, उत्तराखंड आनी हरियाणात  पुरायपणान चालीक लायल्या.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी तंत्रगिन्यान आनी सूशासनाच्या बळग्यार गावगिर्या वाठाराच्या सशक्तीकरणाखातीर सरकारान नेटान पावलां मारल्यांत अशें सांगलां. प्रधानमंत्री मोदी हांणी my gov india ची सोशल मिडिया पोस्ट शेअर केल्या उपरांत ही टिप्पणी केली .

कोलकाताच्या सियालदाह न्यायालयान आरजी कर मेडिकल कॉलेज आनी हॉस्पिटलांत प्रशिक्षीत दोतोराचेर बलात्कार आनी हत्या प्रकरणांत मुखेल आरोपी संजय रॉय हाका दोशी थारायला. न्यायाधीश अनिर्बान दास हांणी आयज हो निकाल

दिलो. ही घडणूक 9 ऑगस्ट 2024 दिसा घडली.  सीबीआयन 7 ऑक्टोबर 2024 दिसा संजय रॉय आड आरोपपत्र दाखल केल्लें.

दिल्ली विधानसभा वेंचणुकेखातीर उमेदवारी अर्जची छाननी आयज जाली. 70 वांगड्यांची विधानसभेखातीर वट्ट एक हजार पांचशें एकवीस उमेदवारी अर्ज दाखल जाल्यात. वेंचणूक आयोगाच्या म्हणण्या प्रमाण काल उमेदवारी दाखल करपाच्या निमाण्या दिसा 680 उमेदवारी अर्ज  दाखल जाले . उमेदवारी अर्ज फाटीं घेवपाची निमणी तारीख सोमार 20 जानेवारी आसा.

महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस हांणी मुंबयतल्या  येरादारी खातीर एक व्यापक मंच तयार करपाची घोशणा केल्या. आयज मुंबयंत रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांचेवांगडा जाल्या बसकेत हो मंच मुंबईकरांचो प्रवास सुसह्य करपाक आदार दितलो असो विस्वास तांणी उक्तायलो. मुंबयकारांक बेगीनूच एकाच तिकेटाचेर उपनगरांतल्या रेल्वे, बेस्ट आनी एसटीचे बशी, मोनोरेल आनी मेट्रोत प्रवास करपाक मेळटलो अशी म्हायती बसके उपरांत पत्रकारां कडेन उलयतना तांणी दिली .    .

भारत आनी अमेरिकेन गुन्यांवकारी तपास, सायबर धमकी आनी डिजिटल फॉरेंसिक हांचेविशीं सहकार्य आनी म्हायती वाडोवपा खातीर समजिकायेच्या कंबलातीचेर सयो केल्या. भारतीय राजदूत विनय मोहन क्वात्रा आनी अमेरिकेच्या घरसुरक्षा खात्याची उपसचीव क्रिस्टी कानेगालो हांणी कंबलातीचेर सयो केल्या अशी म्हायती विदेश मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जायसवाल हांणी सोशल मिडिया पोस्टांवरवी दिली .

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां सकाळी इकरा वरांचेर आकाशवाणीच्या ‘मन की बात’ कार्यावळींत देशवासियान कडेन आपले विचार मांडतले. म्हयन्याळ्या कार्यावळीचो हो 118वो भाग आसा . आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाचे पुराय नेटवर्क, एआर न्यूज वेबसायट आनी न्यूज ऑन एयर मोबायल अप्पाचेर ही कार्यावळ प्रसारीत जातली . तशेंच एआर न्यूज, डीडी न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेरुय ताचे थेट प्रसारण जातले . आकाशवाणीचेर हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडीच प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतली.

भारतीय हवामान खात्यान पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, राजस्थान, उत्तर प्रदेश आनी उत्तराखंडांतल्या कांय वाठारांनी आयज रातीं दाट धुकें पातळपाचो अदमास उक्तायला.

तशेच फाल्यां तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, केरळ आनी माहेत चड पावस पडपाची शक्यताय आसा.

फाल्यां मेरेन नुस्तेकारांनी कोमोरीन वाठार आनी मन्नारआखाता लागसारच्या वाठारांनी दर्यात वचे न्हय अशी शिटकावणी हवामान खात्यान दिला.

40 खो खो विश्वचषक 2025 सर्तींत आयज भारताचे बायलां आनी दादल्याचो पंगड उपांत्य फेरयेंत खेळटले. बायलांचो पंगड आयज सांजे 7:00 वरांचेर नवी दिल्लीच्या इंदिरा गांधी इंडोर स्टेडियमांत दक्षिण आफ्रिके आड जाल्यार दादल्यांचो पंगड रातीं 8जावन 15 मिनिटं चेर दक्षिण आफ्रिका पंगडाआड खेळटलो.

भारतीय ओपन बॅडमिंटन सर्तीत आयज सांजे नवी दिल्लीच्या के.डी.जाधव इंडोर स्टेडियमांत चिराग शेट्टी आनी सात्विकसैराज रांकिरेडी ही भारतीय जोडी दादल्यांच्या दोट्टी गटाचे सेमीफायनलित मलेशियाच्या गोह से फी आनी नूर इज्जुद्दीन हांच्या जोडयेआड खेळटली .

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या.  आकाशवाणी पणजीच्या खबरा विभागाचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले  फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर  नमस्कार